Panaji Regional 1 ST JANUARY 2026 7.25 AM

## dip११५ राज्यपाल

गोंयचे राज्यपाल पुसपती अशोक गजपती राजू हांणी नवें वर्स 2026 च्या निमतान गोंयकारांक आनी संवसारभर रावपी सगळ्या गोमंतकी लोकांक शुभेच्छा दिल्यांत.नवे वर्स हो नूतनीकरण, आशेचो आनी नवी सुरवातीचो काळ अशें राज्यपालान आपल्या संदेशांत सांगलां. आमच्या प्रवासाचेर चिंतन करपाची संद मेळटा, आमच्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजाची कदर करपाची आनी शांतताय, समेट आनी सामुहीक प्रगती खातीर आमची वचनबद्धताय घटमूट करपाची संद मेळटा."हांव लोकांक नव्या आनी व्हडल्या ध्येयां खातीर यत्न करुंक सांगतां. आमच्या वांटून घेतिल्ल्या प्रवासाचेर चिंतन करुंक एक खीण थांबया आनी नव्या वर्साक २०२६ वर्साक नव्यान आशेन आनी आत्मविस्वासान येवकार दिवपाक स्वताक तयार करूंया,' अशें तांणी जोडलें. येवपी वर्स दर एका घरांत सुख, शांती आनी समृध्दी हाडूं. आमी एकवट, समर्पण आनी कल्याणा खातीर वचनबद्धतेन एकठांय मुखार वचूंया अशें राज्यपालान आपल्या संदेश म्हणला.

## मुखेलमंत्री

मुखेलमंत्री सरत्या वर्साक निरोप दितना आनी नव्या वर्साक येवकार दितना मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी २०२६ ह्या नव्या वर्साची समेस्त गोंयकारांक परबी दिल्या. गोंयकारांकं हे वर्स सुखाचे, समृद्धीचे आनी भरभराट करपी थारु अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

गोंयांत येवपी बऱ्या उपक्रमांक गोंयकारांनी तेको दिवचो अशे म्हणला. सकारात्मक दृश्टीकोनातल्यान ह्या वर्साची सुरुवात करची. नवे वर्स हे गोयांखातीर बरे वर्स थारतले असो विस्वास मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला.

## गोंयचो तिसरो जिल्हया

गोंयचो तिसरो जिल्हयाचे नाव कुशावती आसतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या. सांगे, केपे,, काणकोण आनी धारबांदोडा ह्या चारुय म्हालातल्यान ही न्हंय व्हावता, कुशवती हें नांव ह्या वाठाराचें पुर्विल्लें भौगोलिक दायज आनी संस्कृतीक अस्मिताय दाखयता ही न्हय दक्षीण गोंयच्या नागरीकांच्य काळजाकडे जोडील्ली न्हंय ,अशें सांगून सावंत हांणी ह्या न्हंयेन शेंकड्यांनी वर्सां चार तालुक्यांच्या जिविताक, उदरनिर्वाहाक आनी पर्यावरणाक आकार दिला अशें मुखेलमंत्र्यान सांगलें. ताका लागुन नव्या ल्हयाक कुशावती अशे नाव दिला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

धारबांदोडा, काणकोणच्य नागरीकांक केपे येवपाखातीर अंतर कमी जावचो म्हण नवे रस्ते, तशीच चडयेरादारी सुविदा उपलब्ध करतले अशेय मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार स्पश्ट केला.

## जिल्हो पंचायत वांगड्याच्या सोपुतविदी

जिल्हो पंचायतीच्या बसकेक हाजीर लावपापुरती जिल्हो पंचायत वागंड्याचे काम नसता, जाल्यार गावची उदरगत, सरकाराच्यो सुविदा येवजण्यो नागरीकांमेरेन पावोवप, तशेंच सक्षम जिल्हो पंचायत  सक्षम गोय करपाचो हेत बाळगुन जिल्हो पंचायत वांगड्यांनी काम करचे अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज  पर्वरी परीशद घरात आयोजित  जिल्हो पंचायत वांगड्याच्या सोपुतविदी सुवाळ्यावेळार केला. 16 वित्त आयोगावरवी पंचायत आनी जिल्हो पंचायत उदरगतीच्या कामांखातीर  मेळपी  निदीत वाढ जातली. ह्या निदीतल्यान गावांत  बरी साघन सुविदा तयार करपाचे काम जिल्हो पंचायत वांगड्यांनी करचे , ह्यानफुडे थळाव्या, शैक्षणिक संस्तांच्य कार्यावळीनी, ग्रामसभेक हजर रावपाक  जिल्हो पंचायत वांगड्याक आमंत्रण सरकार दितले. गावची उदगरत हो केंद्रबिंदु दवरुन गावातली बाजारपेठ, कोयर वेवस्थापन,खाजन शेती पुर्नजिवित करप तशेचं भौशिक साधन सुविदा उबारपाचे काम जिल्हो पंचायत वांगड्यंनी करचे. जिल् पंचायत वागंड्यांक  जीपार्ड वरवी प्रशिक्षण दिवन तांका identity card सरकार दितले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

स्वयंपुर्ण गोंय करपाक  जिल्हो पंचायत वांगडी महत्वाची भुमिका साकारतले असो विस्वास तांणी ह्यावेळार व्यक्त केला.

ह्यावेळार वेंचुन आयिल्लया 50 सुय जिल्हो पंचायत वांगड्यांनी आयज गोपनियतेची सोपुत घेतली. कार्यावळीक  मुखेल सचिव वी. कान्दावेलु, तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

वेस्ट झोन इंटर युनिव्हर्सिटी हॉकी मेन चॅम्पियनशिप खातीर गोंय विद्यापीठ दादल्यांचो हॉकी  पंगड तयार करपा हेतान 02 जानेवारी 2026 दिसा सकाळीं 10:00 वरांचेर निवड चांचण्यो घडोवून हाडटात. इत्सक  विद्यार्थ्यांनी सकाळीं 09:30 वरांचेर दयानंद बांदोडकर खेळा संकूलांत हाजीर रावचे अशे कळीत केला